**<u>प्रजासत्ताक संचलनाक खास आमंत्रीत सोयरे म्हुण हजर रावपाक</u> कर्तृत्वान <u>आदिवासी सदस्यांकडल्यान अर्ज मागयल्या</u>**

ता. 15 जुलय 2021

केंद्रीय आदिवासी वेव्हांर मंत्रालयान स्वतंत्रतायेच्या 75 व्या वर्स सुवाळ्याचो एक भाग म्हुण नवी दिल्लीत 2022 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलनाक खास आमंत्रीत सोयरे म्हुण हजर रावपा खातीर कला, संस्कृती, साहित्य, खेळ, विज्ञान, लश्कर अशा विंगड विंगड क्षेत्रांतल्या राष्ट्रीय/आंतरराष्ट्रीय कर्तृत्वान/नामवंतांक आमंत्रीत केला.

कला, संस्कृती, साहित्य, खेळ, विज्ञान, लश्कर अशा विंगड विंगड क्षेत्रांत राष्ट्रीय/आंतरराष्ट्रीय मळार योगदान दिल्ल्या गोंय राज्यातल्या अनुसूचीत जमातीतल्या कर्तृत्वान/नामवंत व्यक्तिंनी नवी दिल्लीत 2022 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलनाक खास आमंत्रीत सोयरे म्हुण हजर रावपा खातीर आपले अर्ज/नामांकनां पुराय म्हायती आनी आवश्यक दाखल्यांसयत ता. 19 जुलय 2021 मेरेन संचालक, आदिवासी कल्याण संचालनालय, 5 वो माळो, श्रमशक्ती भवन, पाटो-पणजी हांगा सुपूर्द करपाक जाय. नामांकनाखातीर जातीचो दाखलो सक्तीचो आसा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/592